Panaji National 25th March 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी पश्चिम आशियात शांतता प्रस्थापित करपाखातीर संवाद आणि मुत्सद्देगिरीचेर भर दिला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी श्रीलंकेचे राष्ट्रपति अनुरा कुमार डिसानायके हांच्या बरोबर अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती विशीं चर्चा केली.

संवसारीक आनी प्रादेशिक घडामोडींच्या फाटभुयेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी संरक्षण तयारेचो नियाळ घेतलो.

देशात पेट्रोल आणि डिझेलचा पुरेसो साठा उपलब्ध आशिल्ल्याचे आश्वासन सरकारनं दिला.

देशातली ऊर्जा सुरक्षा घटमुट करपाखातीर नैसर्गिक वायू आणि पेट्रोलियम उत्पादनांखातीर पाईपलाईन घालपाच्या प्रक्रियेक सुव्यवस्थित Korpa hetan केंद्र सरकारान एक novo आदेश जारी केला.

एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस आज अस्तंत आशिया वाठारां खातीर 26 नियोजीत आनी Khaxelea  उड्डाणाचे संचालन करतली.

PM RS – 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अस्तंत आशिया वाठारांत शांतताय पुनर्स्थापित करपा खातीर संवाद आनी मुत्सद्देगिरीचे समर्थन केले. अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा विशीं राज्यसभेंत उलयतना आनी ह्या विशयाचेर भारताची भुमिका स्पश्ट करतना मोदी हांणी सांगलें, भारतान तणाव उणो करपाचो आनी होरमुझ सामुद्रधुनी परतून उक्तो करपाचो मुधो उपस्थित केला.
अस्तंत आशियांत चालू आशिल्लें झूज तीन सप्तकां परस चड काळ चालू आसा आणि हाका लागून संवसारभर उर्जेचें खर संकश्ट निर्माण जालां अशें प्रधानमंत्री

मोदी हांणी सांगलें. पेट्रोल, डिझेल, तेल, गॅस आनी सारें हांची सुरळीतत पुरवण सरकार सुनिश्चीत करता अशें तांणी आश्वासन दिलें. Byte – 40

PM US – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां काल अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाणी फोन केलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, तांणी अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती विशीं विचारांचे आदान-प्रदान केले. तणाव उणो करपाक आनी बेगीनांत बेगीन शांतताय प्रस्थापित करपाक भारताचो तेंको आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्र्यानि सांगलें.

'होर्मुझ सामुद्रधुनी' उक्ती, सुरक्षीत आनी सुलभ आसा हाची खात्री करप हें पुराय संवसाराखातीर सामकें गरजेचें आसा हाजेर तांणी भर दिलो.ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थैर्य प्रस्थापित करपाच्या हेतान चालू आशिल्ल्या यत्नां संदर्भात संपर्कात रावपा विशीं दोनूय फुडाऱ्यां मदि सहमती जाली.

PM Sri Lanka – 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल श्रीलंकेचे राष्ट्रपति अनुरा कुमार डिसानायके हांचे कडेन दूरध्वनी वरवीं संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, अस्तंत आशियांतल्या बदलत्या परिस्थितीचेर तांणी चर्चा केल्या, खास करून संवसारीक उर्जा सुरक्षेचेर परिणाम जावपी व्यत्ययांचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

भारत आनी श्रीलंका हांणी सामायिक आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर एकठांय काम करपाच्या बांधिलकीचो पुनरुच्चर केलो अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

Rajnath - 90

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी काल नवी दिल्लीत संरक्षण प्रमुख, सगळ्या संरक्षण दलांचे प्रमुख, संरक्षण सचिव, सचिव (संरक्षण उत्पादन) आणि डीआरडीओचे अध्यक्ष हांच्या बरोबर जाल्ल्या बसकेंत पश्चिम आशियातली परिस्थिती आणि भारताच्या संरक्षण सज्जतेचेर जावपी ताच्या परिणामाचो नियाळ घेतलो.हे बसकेंत मंत्र्यांक जागतीक आनी प्रादेशिक सुरक्षा परिस्थिती, चालू आशिललो संघर्श वाडल्यार ताचो भारताचेर जावपी संभाव्य परिणाम, तशेंच सध्याच्या भू-राजकीय परिस्थितींतल्यान निर्माण जावपी आव्हानां आनी संधी हांचे विशीं म्हायती दिली.

Chauhan – 30

केंद्र सरकारान केल्ल्या सातत्यपूर्ण प्रयत्नांक लागून देशातल्या शेतकऱ्यांच्या उत्पन्नात लक्षणीय वाड जाल्या अशें केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. काल लोकसभेत प्रश्नोत्तरा वेळार पूरक प्रश्नांक जाप दितना तांणी सांगले...Byte 24

Briefing – 150

देशात पेट्रोल आणि डिझेलचा पुरेसो साठा उपलब्ध आशिल्ल्याचे आश्वासन सरकारनं दिला; तसेच एलपीजीचे (LPG) देशांतर्गत उत्पादन वाडयलां आनी सगळ्यो रिफायनरीज आपल्या पुराय क्षमतेन काम करतात अशे सांगले. अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाच्यो संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी नागरिकांनी अफ़वांचेर विस्वास दवरचो न्हय आनी भियेवन खरेदी करपाक टाळचें अशें सांगलें. तांणी सांगले, सरकारान 'सिटी गॅस वितरण कंपन्यांक ' असे निर्देश दिल्यात की, जय पाइपलाइनची सुविधा परिसरात उपलब्ध आसा,थंय निवासी शाळा, म्हाविद्यालयां, सामुदायिक रांदचीकूड, आनी अंगणवाडींची रांदचीकूड पाच दिसां भितर या पाइपलाइनिक जोडची.

खंयच्याच बंदराचेर गर्दी ना आनी सागरी वेपार कसलोच खंड पडनासतना चालू उरचो हाची खात्री सरकार करता अशें बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयाचे खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी परतून एक फावट स्पष्ट केले. भारतीय ध्वज धारण केल्ल्या दोन एलपीजी वाहक जहाज Pine Gas आनी Jag Vasant 'स्ट्रेट ऑफ होर्मुझ' सुखरूप पार केल्या, ती भारताच्या दिशेने मार्गस्थ आसात अशें तांणी सांगले.

Centre Pipeline – 60

देशातली ऊर्जा सुरक्षा घटमुट करपाखातीर नैसर्गिक वायू आणि पेट्रोलियम उत्पादनांखातीर पाईपलाईन घालपाच्या प्रक्रियेक सुव्यवस्थित करता हेतन केंद्र सरकारान एक नवो आदेश जारी केला . होर्मुझच्या सामुद्रधुनीतल्या अडथळ्याक लागून इंधन पुरवनेट जावपी व्यत्ययांविशी वाढत्या हुस्क्यांच्या फाटभुंयेर हो आदेश आयला.

Govt. PNG – 80

सरकारान अत्यावश्यक वस्तू कायदो, 1955 खाला 'नैसर्गिक वायू आनी पेट्रोलियम उत्पादन वितरण (पायपलायनी आणि हेर सुविधा घालप, बांदप, संचालन, आनी विस्तार करप) आदेश, 2026' अधिसूचित केला. ह्या नव्या आदेशाचो हेतू म्हळ्यार टप्प्यापर्यंतची कनेक्टिव्हिटी वाडोवप आनी देशभरांत पाईपवरवीं सैमीक वायू (PNG) च्या विस्ताराक गती दिवप. हो आदेश देशभरांत पाईपलाईन घालपा खातीर आनी विस्तार करपापाखातीर एक सुव्यवस्थित आणि कालबद्ध चौकटी दिता, मान्यताय मेळोवपाक आनी जमनीची उपलब्धताय मेळोवपाक कळाव पयस करता आनी निवासी वाठारां सयत नैसर्गिक वायूच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो नेटान विकास करपाक सक्षम करता.

Iran – 60

अस्तंत आशियांतल्या युद्ध च्या 25 व्या दिसा इझ्राएल आनी इराण हांचेमदीं क्षेपणास्त्र हल्ले चालू आसात. काल सकाळीं इराणान केल्ल्या क्षेपणास्त्र हल्ल्या उपरांत इझ्राएल हाय अलर्टाचेर आसा. मध्य तेल अवीवांतल्या निवासी वाठारांत क्षेपणास्त्र पडले हाका लागून जायत्या जाणांक मरण आयलें आनी इमारतींचें लुकसाण जालें. ताका जाप दितना इझ्राएल लश्करान हवाई हल्ले केल्यात आनी इराणी राजधानी तेहरान आनी हेर सुवातींनीवेल्या सुमार पन्नास जाग्यांक तांणी लक्ष्य केले.

Air India – 45

एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस आज अस्तंत आशिया वाठारां खातीर 26 नियोजीत आनी खाशेली उड्डाणाचे संचालन करतली. सोशल मिडिया पोस्टांत एअर इंडियान सांगलां की दोनूय विमान एयरलाइंस जेद्दाक आपली निर्धारित सेवा चालू दवरतली, भारत आनी जेद्दा हांचे मदीं वट्ट 8 उड्डाणा संचालित करतली.

Railway – 90

अंदू 52 सप्तकांत 52 सुदारणां चालीक लावपाच्या भारतीय रेल्वेच्या संकल्पाचो एक भाग म्हूण रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल नवी दिल्लींत पांच सुदारणां जाहीर केलीं. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना मंत्री हांणी मंत्र्यांनी तिकीट रद्द करप आनी परतफेड करपाचे नेम, रेल्वे बोर्डिंग प्रक्रियांत बदल, मीठ

वाहतूक, ऑटोमोबाईल वाहतूक आनी बांदकामाच्या गुणवत्तेबाबत सुदारणां जाहीर केलीं.

IMD – 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज ईशान्य राज्यांनी तशेंच आंध्र प्रदेश, मराठवाडा आनी तेलंगनात गडगड  वीज आनी नेटाच्या वाऱ्या बरोबर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन मध्य महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी उपहिमालयन अस्तंत बंगालात अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा